Panaji Regional

12th March 2026 7.25 am

CCP - 35

पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर काल शांततायेन मतदान जालें. अंदू 69.07 टक्के मतदान जालां. म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 69 उमेदवारां मदीं लडत जाली. फाल्या सकाळीं 8 वरांचेर श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर मतमेजणी सुरू जातली.

CM Assembly - 90

मयेचे आमदार प्रेमेंद शेट हांणी दुदकारांक दुदांचेर दितात त्या हमीभावात वाढ करची. तशेचं हो हमी भाव तांका म्हयन्याच्या म्हयन्या मेळपाक जाय. ना जाल्यार दुंद वेवसायिकांक लुकसाण जाता अशे म्हणला. दुदकारांक दितात त्या हमीभावात १ एप्रिलासांवन वाढ करता अशे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला. Byte

भातशेती करपी शेतकारांक दितात तो हमीभाव वाडोवच अशी मागणी आमदार चंद्रकांत शेट्ये हांणी केला ह्यानपयली २ रुपया प्रती किलो असो हमीभावाच्या दरात वाढ केलली. मात ती उणी आसा, ह्या हमीभावात वाढ जावपाची गरज आसा अशे तांणी शुन्य वराक सभाघराच्या नदरेक हाजुन दिला. Byte

Rane – 80

विधानसभेन जे कायदे केल्या आनी जे किदें नेम आसा, ते प्रमाण नगरनियोजन खात्याचो कारभार चलता. कायदो, नेम आनी मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण निर्णय घेतात, अशें नगरनियोजन मंत्ी विश्वजीत राणे हांणी सांगलें. नगरनियोजन कायद्यात कलम १७ (२)चो आसपाव १९९७ वर्सा जाला. कलम १७ (२) आनी ३९ (ए)चो विशय न्यायप्रविश्ट आसा, अशें तांणी सांगलें.

सभाघरात बुदवारा राती नगरनियोजन, राना, भलायकी, शार उदरगत खात्याच्या मागण्यांचेर चर्चा जाली. चर्चे उपरांत मागण्यांक मान्यताय दिली. मागण्याच्या चर्चेक जाप दितना मंत्ी विश्वजित राणे हांणी ही म्हायती दिली.

CM Ponda – 130

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं काल फोंडा हांगाच्या कृशी बाजार संकुलात नवीन फोंडा तालुका नागरी पुरवण कार्यालयाचे उक्तावण जालें. तशेंच मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला सवाय धान्य दुकानदारांक 3.17 कोटी रूपया कमिशन वितरीत केले.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री सावंत हांणी

Edu – 140

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या कार्यवायेक लागून २०२६ - २७ या शीक्षणीक वर्सा खातीरचे वर्ग एप्रिलसावन सुरू जातले. अंदूच्या वर्सा खातीर वर्ग तशेच निकालाच्या तारखो शीक्षण खात्यान जाहीर केल्या. यत्ता ५वी ते ९वी खातीर १३ मार्च ते ३० मार्च २०२६ मेरेन सुटी आसतली. यत्ता ६वी ते १०वी आनी यत्ता १२वी खातीरचे वर्ग १ एप्रील २०२६ सावन सुरू जातले. एप्रील म्हयन्यात दिसाक उण्यात उणे साडे तीन वरा वर्ग घेवचे पडटले.

येत्या शीक्षणीक वर्सा सावन सगळ्या यत्ता खातीर एनईपी लागू जातली. हाका लागून एप्रिलात वर्ग सुरू जातलें. पाचवी आनी इकरावेचे वर्ग जूनात सुरू जातले.

Weather – 25

वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण फुडलें स दिस राज्यांत चडांत चड तापमान 33-34°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24-25°C आसपाची शक्यताय आसा.

Sports – 65

गोवा क्रिकेट असोसिएशनान पर्वरे जीसीए सभाघरांत गोवा प्रीमियर डिव्हिजन लीग खातीर पावणी आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तीत पणजी जिमखाना, जिनो स्पोर्ट्स क्लब, साळगांवकार क्रिकेट क्लब, मडगांव क्रिकेट क्लब, चौगुले स्पोर्ट्स क्लब आनी धेंपो क्रिकेट क्लब वांटेकार जातले. 21 मार्च ते 17 एप्रील मेरेन ही सर्त जातली.